Time : 3 Hours **KONKANI**

**Subject Code**

| N | 1 | 1 | 3 | 2 |
|---|---|---|---|---|

**Total No. of Questions : 60 (Printed Pages : 16) Maximum Marks : 80**

**सकयल दिल्या दर एका विधाना सकयल A B C D अशे चार पर्याय दिल्यात तातुतलो योग्य पर्याय वेचून वर्तुळ करात/कुरु करात/बरयात.**

1. उंचेल्या पदाची प्राप्ती केन्ना जाता ? 1

(A) तेज आनी इत्साशक्त बाळगीत खर साधना केल्यार

(B) चिकाटी आनी जिद्द बाळगीत जाल्यार

(C) कठोर परिश्रम केले जाल्यार

(D) फळाची अपेक्षा धरीनासताना काम केल्यार

2. निमणे मेरेन चिकाटी धरून यत्न करतात : 1

(A) तांकांच नोकरी मेळटा

(B) तांकांच अपयश मेळटा

(C) तांकांच जैत मेळता

(D) तांकांच इनाम मेळटा

3. "तुमकां मातूय कशे व्यव्हार गिन्यान ना काय म्हणता हांव" हे विधान : 1

(A) निशान आपल्या घोवाक म्हणले

(B) पुट्टपान बरोवप्याक म्हणले

(C) बरोवप्यान पुट्टपाक म्हणले

(D) बरोवप्यान आपल्या बायलेक म्हणले

4. पुरणकार सावजाक भुजोवपाक किर्ते करतात ? 1

(A) फोगोट्यो पेटयतात

(B) बुजगावणे लायतात

(C) वाजप वाजयतात

(D) सुण्याक सोडतात

5. कणकीचे बेट खंय जल्माक आयला ? 1

(A) शेतात जल्माक आयला

(B) डोंगरार जल्माक आयला

(C) तळपाच्या खाचीत जल्माक आयला

(D) भूयेर जल्माक आयला

6. आमची भुंय कशी आसा ? 1

(A) आमची भुंय सुंदर सोबित आसा

(B) आमची भुंय पाचवीचार आसा

(C) आमची भुंय भोव मोलची सर्गा परस बरी आसा

(D) आमची भुंय शुर वीरांची आसा

7. खूब वर्सा जातकच कसलो बदल घडलो ? 1

(A) खूब वर्सा उपरांत कालचे शेजारी अनवळखी जाले

(B) खूब वर्सा उपरांत आमी एकमेकाचे दुस्मान जाले

(C) खूब वर्सा उपरांत आमी शेजारी गरीब जाले

(D) खूब वर्सा उपरांत शेजारी पयस जाले

8. मनशाक नसाय केन्ना जाता ? 1

(A) पावस आपल्या घरा पडना तेन्ना

(B) दुसऱ्याच्या पोशात घसघाशानी पावस पडल्यार

(C) पावस भेदभाव करता तेन्ना

(D) पावस चड पडता तेन्ना

9. आपलो पूत रडटा ते पळोवन आवयक दुख भोगता. आडी मारिल्ल्या उतराक लागपी अचूक वाक्प्रचार वळखात : 1

(A) काळजांत कळ उदेवप

(B) ध्यास घेवप

(C) तोंड बावप

(D) सादूर रावप

10. हांवे अभ्यास करूंक ना म्हण शिक्षकान म्हाका तापोवन काडलो. आडी मारिल्ल्या उतराचो अचूक वाक्प्रचार वळखात : 1

(A) विलो लावप

(B) धारेर धरप

(C) गरम करप

(D) पिळून काडप

11. दुरीग प्लॉटाचे भितर घेतलें पयलीं हाडून दिसां बांदून भोंवतणीं चिरे पंदराच. उतरांची अचूक मांडणी वळखात : 1

(A) चिरे हाडून पांदराच दिसां भितर प्लॉटाचे भोंवतणीं पयलीं दुरीग बांदून घेतलें

(B) पयलीं पांदराच दिसां भितर चिरे हाडून प्लॉटाचे भोंवतणीं दुरीग बांदून घेतलें

(C) पांदराच दिसां भितर चिरे हाडून प्लॉटाचे भोंवतणीं पयलीं दुरीग बांदून घेतलें

(D) दुरीग पांदराच दिसां भितर चिरे हाडून प्लॉटाचे भोंवतणीं पयलीं बांदून घेतलें

12. काल खूब पावस पडला. ह्या वाक्याचे अचूक न्हयकारी रूप वळखात : 1

(A) काल खूब पावस पडलो ना

(B) काल जायतो पावस पडलो ना

(C) काल खूब पावस पडिल्लो ना

(D) काल थोडो पावस पडलो ना

13. रेवेंत चलप सोंपे नासता. ह्या वाक्याचे अचूक हयकारी रूप वळखात : 1

(A) रेवेंत चलप सोंपे आसता

(B) रेवेंत चलप कठीण आसा

(C) रेवेंत चलप सोंपे आसा

(D) रेवेंत चलप कठीण आसता

14. बापूय जेवण रांदता. वाक्याचे स्त्रीलिंगी रूप वळखात : 1

(A) बापायन जेवण रांदले

(B) मावशी जेवण रांदता

(C) आवय जेवण रांदता

(D) बायल जेवण रांदता

15. भुरगो बरो आसा. ह्या वाक्याचे भोववचनी रूप वळखात : 1

(A) भुरगी बरी आसात

(B) भुरगे बरे आसा

(C) भुरगे बरे आसात

(D) भुरग्यानी बरे आसतात

16. सदां-ह्या उतराचें उरफाटे उतर वळखात : 1

(A) केन्नाय

(B) सदाकाळ

(C) सदांच

(D) मात्शे

17. ''फितूर'' या उतराचे समानार्थी उतर वळखात : 1

(A) भागीदार

(B) सामील

(C) जबाबदार

(D) ओपरीगाद

18. ताची पिराय म्हजे परस चड आसली. वाक्यांतले अव्यय वळखून ताची तरा बरयात : 1

(A) संबंदी

(B) जोड

(C) उमाळी

(D) क्रियाविशेशण

19. आवयस्! ह्या अव्ययाचे बरोबर वाक्य वळखात : 1

(A) आवयस केदो व्हडलो सोरोप

(B) आवयस्! केदो व्हडलो सोरोप

(C) आवयस् केदो व्हडलो सोरोप!

(D) केदो! आवयस्! व्हडलो सोरोप

20. I went to stay at my friend's place during vacation. ह्या वाक्याचो अचूक कोंकणी अणकार वळखात : 1

(A) सुटयेंत हांव माज्या इश्टागेर रावपाक गेल्लो

(B) सुटयेंत इश्ट म्हज्या घरा रावपाक आयलो

(C) सुटयेंत हांव आनी म्हजो इश्ट घरा रावपाक गेले

(D) म्हजो इश्ट सूटयेर गेलो

21. माका वांगडाच सेळो घाम सुटलो. ह्या वाक्याचो शुद्ध रूप वळखात : 1

(A) म्हाका वांघडाच सेळो गाम सुटलो

(B) म्हाका वांगडाच शेळो गाम सुटलो

(C) माका वांगडाच सेळो घाम सुटलो

(D) म्हाका वांगडाच शेळो घाम सुटलो

22. मडगांव शार सोबीत दिसता. आडी मारिल्ल्या नामाची तरा वळखात : 1

(A) जात नाम (B) खास नाम

(C) भाव नाम (D) रास नाम

23. तो अमेरिकेक रावंक सोदतालो. आडी मारिल्ल्या उतरांची जात वळखात : 1

(A) नाम (B) क्रियापद

(C) विशेशण (D) सर्वनाम

24. शेतकार शेतांत कश्ट करता. हे वाक्याचे भूतकाळ रूप वळखात : 1

(A) शेतकार शेतांत कश्ट करतलो

(B) शेतकारान शेतांत कश्ट केले

(C) शेतकार शेतां कश्ट करतात

(D) शेतकार शेतांत कश्ट करपाचो आशिल्लो

**दिल्लो उतारो वाचून सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो कुरू करात.**

आमच्या भारत देशांत लोकशाय राज्य चलता. एक सुज्ञान नागरीक जाल्ल्यान सबंद भारतांत कितें घडटा हें जाणून घेवप आमचें कर्तव्य देखून खबरांपत्र (वर्तमानपत्र) वाचप हे खूब गरजेचे.

वर्तमानपत्र समाजाचो हारसो अशें म्हणटात. हारशांत आमकां आमचें आसा तशें प्रतिबिंब दिसता तशेंच समाजांत जें कितें घडटा मागीर तें वायट आसूं वा बरें तें सगळे आमकां खब्बरांपत्रांचेर वाचपाक मेळटा. टीवी, यूट्यूब, वॅबसायट वा इंटरनॅटाचेर वचून ह्यो गजाली आमकां आयकुपाक वा वाचपाक मेळटात पूण वर्तमानपत्रा वयली बातमी जाय तेन्ना जाय थंय बसून वाचपाक जो आनंद आसता तो आनंद ती खोस बाकीच्या साधनांक दिवपाक जमना. तेच खातीर इतलीं साधनां येवन लेगीत वर्तमानपत्रांचो खप वाडत आसा.

आमच्या समाजात कितें घडता. संवसारात कसल्यो गजाली घडतात त्याची सगळी माहिती आमकां खाबरापत्रानी मेळटा. कराच्या रुपान आमचो पयसो राज्यदरबारांत एकठायं जाता. तो खंय आनी कसो खर्च जाता हैं वाचून समजून घेवप ही आमची जबावदारी.

नेमाळें वाचिल्ल्यान खूब गजालीचें गिन्यान मेळटा. विज्ञानाच्या मळार नवे नवे सोद लागतात ताची म्हायती मेळटा. म्हाविद्यालयांतले विद्यार्थी उदकाची बचत, कोयराचो विलो, पेट्रोलाची बचत हांचेर सोद लायतात हे वाचून आमचीय उरबा वाडटा.

इतलेंच न्हय तर बेकारां खातीर नोकरेची म्हायती आसता. कोणाक घर भाड्याक जाय, विकत घेवपाक जाय जाल्यार घरांत बसून तुमकां ही खबर कळटा. कोण जल्माक आयले आनी कोण भायर पडले हेंय आमकां कळटा.

वेगवेगळ्या विशयां वयले लेख तर विद्यार्थ्यां खातीर पुरवणीच आसता. ह्या लेखांचो सामान्य गिन्यान वाडोवपा खातीर तशेंच शाळेतल्या कार्यभारा खातीर खूब उपेग जाता. वर्तमानपत्र खंयचेय भाशेंतलें आसूं दी तें वाचून आमची भास सुदारता, आमच्या गिन्यानांत नव्या उतरांची भर पडटा. आमचो आत्मविश्वासूय वाडटा. आयतारची पुरवणी तर खासा भुरग्यां खातीर आसता. आमचें लिखाण थंय प्रकाशीत करतात आनी आमकां बरोवपाची संद दितात. वर्तमानपत्राचेर बरोवन बरोवन खूबशे लोक कवी आनी लेखक जाल्यांत. खरेंच वर्तमानपत्र म्हणल्यार गिन्यानाचो घसघसो. आमचे सारक्या विद्यार्थ्यांनीच न्हय तर सगल्यांनी जाता तितल्या भाशांतली वर्तमानपत्रां वाचुंक जाय. एकदां वाचूंक लागल्यार संवय सुटची ना आनी हे संवयेचो फायदोच फायदो जातलो.

25. आयतारची पुरवणी कोणा खातीर खास आसता ? 1

(A) सरकाराचेर लेखां खातीर खास आसता

(B) भुरग्यांक खातीर खास आसता

(C) मनोरंजनाचे कार्यक्रमा खातीर खास आसता

(D) खेळ आनी कोडे सोडवपा खातीर खास आसात

26. वर्तमानपत्राक समाजाचो हारसो अशें कित्याक म्हणटात ? 1

(A) सगळ्योच गजाली दितात म्हण

(B) समाजाचें प्रतिबिंब दिसता म्हण

(C) ताचेर खबऱ्यो मेळटात म्हण

(D) मनोरंजना खातीर उपयोगी पडटा म्हण

27. वर्तमानपत्रातल्यान बरयल्यार कसली संद मेळटा ? 1

(A) राज्याचो खर्च कितें आसा हें समजून घेवपाची संद मेळटा

(B) सामाजीक कार्य कितें हें समजून घेवंक शकतात

(C) लेखक कवी जावपाची संद मेळटा

(D) सरकारी नोकरीची संद मेळटा

28. खरो आनंद आनी खोस कित्यांत असता ? 1

(A) वर्तमानपत्र वाचपात खरो आनंद आनी खोस आसता

(B) टीवी सिरीयल पळोवपांत खरो आनंद आनी खोस आसता

(C) इंटरनेटाचेर गजाली वाचपात खरो आनंद आनी खोस आसता

(D) मोबायलार व्हिडीओ पळोवपाक खरो आनंद आनी खोस आसता

29. वर्तमानपत्रांत कसल्यो खबरो वाचून विद्यार्थ्यांक उर्बा मेळटा ? 1

(A) मनरीजवण आनी खेळा खबरो वाचून

(B) चित्रपटांचें विश्लेषण वाचून

(C) लोकांचे जिवनचरित्र वाचून

(D) विद्यार्थ्यांनी वेगवेगळ्या विशयाचेर लायिल्ले सोद वाचून

30. बेकारां खातीर वर्तमानपत्रांत कसली म्हायती मेळटा ? 1

(A) नोकरेची म्हायती मेळटा

(B) गजाली आनी कथाची म्हायती मेळटा

(C) मनोरंजनाच्या बातम्या म्हायती मेळटा

(D) सांस्कृतीक कार्यक्रमाची म्हायती मेळटा

31. वर्तमानपत्राचेर वेगवेगळ्या विशयां वयले लेखातल्यान विद्यार्थ्यांक कसो उपेग जाता ? 1

(A) सामाजीक सेवेत उपेग जाता

(B) सामान्य गिन्यान वाडोवपा खातीर जाता

(C) मनोरंजन करपा खातीर उपेग जाता

(D) सरकारी अधिकारी जावपाखातीर उपेग जाता

32. वर्तमानपत्र वाचून कसलो लाव मेळटा ? 1

(A) विद्यार्थ्यांचे संवाद कौशल्य वाडता

(B) विद्यार्थ्यांची भास सुदारता

(C) विद्यार्थ्यांची शारीरिक तंदुरुस्ती जाता

(D) विद्यार्थ्यांचे वक्तृत्व कौशल्य वाडता

**दिल्लो उतारो वाचून सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो कुरू करात.**

आमी ज्या समाजांत रावतात त्या समाजाचे कांय नेम आसतात. आमचे जिणेंत वेवस्थीतपण हाडपाचें आसत जाल्यार हे नेम आमकां पाळपाकूच जाय. जाल्यारूच आमी बरे तरेन जगतले. बरे नागरीक जातले.

शिस्त हें अशें मुल्य आसा जाचें बाळकोडू भुरगेपणांतूच मेळपाक जाय. जाल्यारूच तांचे जिणेक योग्य दिका मेळटा. शिस्ती खातीर तांच्या जगण्यांत, वागण्यांत, चलपांत, बसपांत, उलोवण्यांत सुसुत्रताय येता.

तांचे काम करपाचे पद्दतींत लेगीत शिस्त आसता. एकदां आमी शिस्तीन काम करपाक लागली की ताची आमकां संवय जाता आनी आपसूक आमची जीण वेवस्थीत जाता. जिणेक एके तरेचें मोडण लागता. ल्हानपणा सावन शिस्तीचे पाठ गिरयिल्लो भुरगो बऱ्या मार्गान वता: बेशिस्तपणान वागपी भुरगो बेशिस्त जाता. घरांतूच न्हय जाल्यार समाजांत लेगीत, लोकांक अश्या भुरग्यांचो त्रास सोंसचो पडटा. घरांत तोड-फोड करपी भुरगो भौशीक सुवातेर आपल्याक जाय तें मेळना वा जाय तशें जायना जाल्यार बस फोड, वाहनाक उजो घाल, फातर शेवटी अशे प्रकार करता. वेगान मोटरसायकल चलोवपी बेशिस्त भुरगो कितल्याश्याच लोकांक जिवेशीं मारता. ताचे बेजबाबदारी खातीर दुसऱ्यांक त्रास भोगचे पडटात.

आमचे जिणेंत शिस्त हाडप आनी ती पाळप ही काळाची गरज. भारत नितळ करपाचें काम सरकाराचें न्हय. आमी कोयर उडयतात त्या कोयराचो विलो आमीच लावपाक जाय. भौशीक सुवातेर कोयर उडोवचों ना. आपल्या कोयराचो प्रश्न आपूण सोडयतलों ही शिस्त आपल्याक लावपाक जाय. परिसर नितळ उरतलोच तेच प्रमाण आमकां भौशीक नितळसाणीची शिस्त लागतली. भौशीक सुवातेचेर शिस्तीची खूब गरज आसा. बसींत चडटना, स्वस्त दरेच्या दुकानांत तशेंच बँकेत गर्दी करिनासतना रांकेन वचपाक जाय. अशें केल्ल्यान वेळ वांचता आनी आमच्या जिवाक त्रासूय जायनात.

जपाना सारक्या प्रगत देशांत संपार वचपी कामगार शर्टाचेर काळो कपडो लावन निशेध उकतायतात आनी काम चालूच दवरतात. आमच्या भारतांत संपार गेल्ले लोक मोडटात, फोडटात, लासतात, मागीर ती रेल्वे, बस, दुकानां आसूं. आमच्यो मागण्यो लेगीत आमी शिस्तीन मागपाक जाय. व्यक्तिगत वा भौशीक जिणेंत शिस्त हाडून जीण सुखी करतले जाल्यार पयलीं आमी आमचे जिणेंत शिस्त हाडपाक जाय. जाल्यारूच आमचीच न्ही तर आमच्या देशाची लेगीत प्रगती जातली.

33. ल्हानपणासावन शिस्त पाळपी भुरगे कशें वागतात ? 1

(A) तें बेशिस्त वागता आनी मोड करतात

(B) तें बऱ्या मार्गान वतात आनी शिस्त पाळटात

(C) तें घरांत बरे वागतात पुण भायर त्रास करतात

(D) तें फकत दुसऱ्यांचो हुकुम मानतात

34. आमच्या देशाची प्रगती जातली जाल्यार कितें करप गरजेचे ? 1

(A) आमी आमची वागणूक सुदारपाक जाय

(B) आमी जिणेत शिस्त हाडपाक जाय

(C) आमी बेशिस्त आनी स्वच्छता हाडपाक जाय

(D) आमी शिस्त आनी सरकाराचे नियम पाळपाक जाय

35. शिस्त आसल्यार कितें फायदो जाता ? 1

(A) शिस्त आसल्यार जगण्यात, वागण्यात आनी उलोवपात सुसूत्रताय येता

(B) शिस्त आसल्यार जगणे कठीण जाता

(C) शिस्त आसल्यार जिवितात उमेद येता

(D) बेशिस्त आसल्यार जगणे आनी वागणे नीट जाता

36. वेगान मोटरसायकल चलोवपी भुरग्याक लागून कितें घडता ? 1

(A) लोकांक जिव वगडावचो पडता

(B) मोटरसायकल चालोवपी भुरग्याक दंड पडता

(C) भुरग्याक मौज आनी मजा भोगुक मेळटा

(D) शिस्तीचो मार्ग सापडता

37. आमी नेम पाळ्ळे जाल्यार कितें जातले ? 1

(A) आमी बेशिस्त नागरीक जाताले

(B) आमी बरे नागरीक जातले

(C) आमकां त्रास सोंसचे पडटले

(D) आमकां शिस्तीचे इनाम फाव जातले

38. जापानचे कामगार कशें तरेन निशेध व्यक्त करतात ? 1

(A) तें मोडतोड करतात आनी काम बंद करतात

(B) तें शर्टाचेर काळो कपडो लावून काम बंद करतात

(C) तें शर्टाचेर काळो कपडो लावून काम चालूच दवरतात

(D) तें सरकारी मालमत्ता लासून उपोशणाक बसतात

39. नितळ भारताचें काम कोणाचेर अवलंबून आसा ? 1

(A) सरकाराचेर आनी तांचे अधिकाऱ्यांचेर आसा

(B) आमचे सगळ्यांचे नागरिकांचे आसा

(C) फकत भुरग्यांनीच नितळ भारताचें काम करपाचें आसा

(D) कोयर उडयनात त्या लोकांचेच आसा

40. भौशीक सुवातेर शिस्त पायळी जाल्यार : 1

(A) वेळ वाचता आनी त्रास जायनात

(B) बँकेत रोखडेच पैशे मेळटात

(C) सगळे एकाच वांगडा चडटात आनी त्रास जातात

(D) घराकडेन ताचे परिणाम दिसतात

सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन प्रस्नाच्यो जापो दरेकी 18 ते 20 उतरांनी बरयात. 6

41. पुरण शेती म्हळयार कितें ?

42. पावसाच्या थेंब्याचो मोती केन्नां जाता ?

43. स्वायन फ्लू म्हणल्यार कितें ?

44. बरोवप्याक शेळो घाम कित्याक फुटलो ?

सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नाच्यो जापो दरेकी 40 ते 45 उतरांनी बरयात. 8

45. विवेक आनी सुरेखा कसली सपना बाळगून आशिल्लीं ?

46. सोरपाच्या जातीविशीं लोकांमधी कसले गैर समज आनी अंधश्रद्धा आसात ?

47. स्वायन फ्लू हें दुयेंस जावचे न्हय म्हूण कसली खबरदारी घेवंक जाय ?

सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नाच्यो जापो दरेकी 15 ते 20 उतरांनी बरयात. 4

48. देवाची पालखी घडोवपाक कोणे कोणे वावर केलो ?

49. देशाच्या धुवांपुतांनी कसलो निश्चेव केला ?

50. भूरग्यीं देवाकडे कासलें मागणे करतात ?

सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नाच्यो जापो दरेकी 25 ते 30 उतरांनी बरयात. 6

51. ओळख कवितेत कवीन आपले दु:ख कशें व्यक्त केलां ?

52. पावस कवितेत कवी पावसाचे खंयचे गुण दाखोवन दिता ?

53. मागणे कवितेत देवाची माया आनी सासाय कशी पळोवपाक मेळटा ?

54. ''वेळाचे महत्त्व'' या विशयाचेर धुव आनी बापुय हांच्या मदी जाल्लो संवाद सुमार 10/12 वाक्यांनी बरयात. 5

55. तूं रोहित/रोहिणी वेळीप, रावता घर. नं. 101, काजुवाडा, मोरपिर्ला, केपे, गोंय. हांगा साकुन आपल्या धाकट्या भावाक शिस्तीचे महत्व सांगपी चीट बरयता. 5

वा

56. सकयल दिल्ल्या मुद्द्यांच्या आदारान काणी बरयात. काणयेक योग्य माथाळो दियात आनी देख सांगात. 5

एक हुशार भुरगो ............. गिरेस्त घराब्यात जल्म ............. आवय बापायचे लाड ............. मागता ते दिवप ............. म्हारग मोबाईल भेट दिवप ............. मोबायला वेल्या ऑनलाईन गेमीचे व्यसन ............. तकलेर वायट परिणाम जावप ............. मानसिक संतुलन इबाडप ............. आवय बापायक पश्चाताप.

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर 150 उतरानी बरयात.** 6

57. एकां शिक्षकाची आपजीण

58. खासा भुरग्याच्या शाळेत एक वर

59. म्हज्या सपनातले गोंय

60. वाचन साधना हीच खरी साधना.

## Rough Work